# पेडणेचो बसस्टँण्ड आनी बाजार प्रकल्पाचे फाल्या उक्तावण

ता. 14 ऑगस्ट 2018

23 श्रावण 1940

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ऊर्फ सुदीन ढवळीकर हांचे हस्तूकीं फाल्या ता. 15 ऑगस्ट दिसा सांजेच्या 4.30 वरांचेर पेडणेचो बसस्टँण्ड आनी बाजार प्रकल्पाचे उक्तावण जातले.

उक्तावण कार्यक्रमाक पर्यटनमंत्री श्री. मनोहर आजगांवकर, आमदार आनी गोंय साधनसुविधा उदरगत महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. दिपक पाऊसकर, कदंब येरादारी महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. कार्लूस आल्मेदा, गोंय साधनसुविधा उदरगत महामंडळाचे उपाध्यक्ष श्री. सिध्दार्थ कुंकळयेकर, पेडणेच्यो नगराध्यक्षा श्रीमती श्रध्दा सुरेश माशेलकर, येरादारी खात्याचे संचालक श्री. निखिल देसाय आनी हेर मानेस्त हजर रावतले.